राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 23 ऑक्टोबर 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दिवाळीच्या उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक मनाकाळजासांवन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी हो दिव्यांचो उत्सव जात-पात वा धर्म भेदभाव करीनासतना देशभर व्हडा उमेदीन आनी मौज-मजेन मनोवपात येता. आमच्या देशाच्या अफाट आनी तरेकवार सामाजिक-सांस्कृतीक परंपरेत दिव्यांचो हो विलक्षण आनी भव्यदिव्य उजवाड अज्ञान, असत्य, उर्मटपण आनी स्वार्थाचो काळोख पयस करता आनी गिज्ञान, सत्य, नम्रताय आनी मानवता सेवेच्या सकारात्मक विचारांनी आमची मनाकाळजा लखलखीत करता. त्याच वेळार हो पवित्र सण लोकांमदी एकजूट आनी अखंडतायेचे नाते मजबूत करता.

ह्या वर्सा दिवाळीचो उत्सव ह्या सोबीत आनी सुंदर अशा गोंय राज्यांतल्या लोकांच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी खुशालकायेचो उजवाड घेवन येव, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा/सप/ प्रना/ विगां/ 2022/570

--

Issued by
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji